# दिव्यांग व्यक्तिंक खास (युनिक) वळखपत्रा खातीर अर्ज

ता. 16 ऑक्टोबर 2020

केंद्रीय सामाजिक न्याय आनी सशक्तिकरण मंत्रालयाच्या दिव्यांग सशक्तीकरण विभागान दिव्यांग व्यक्तिंखातीर खास (युनिक)वळखपत्र प्रकल्प सुरू केला. गोंय राज्यांत समाज कल्याण खात्या वतीन ह्या प्रकल्पाची अंमलबजावणी करून दिव्यांग व्यक्तिंक खाशेले दिव्यांग वळखपत्र जारी करतात.

खाशेल्या (युनिक) दिव्यांग वळखपत्रा खातीर अर्ज करपी व्यक्ती वैजकीय मंडळाच्या दाखल्या प्रमाण उण्यात उणे 40 टक्के आनी त्या वयर दिव्यांग आसपाक जाय. दिव्यांग व्यक्तिन अर्जा वांगडा स्कॅन केल्लो पासपोर्ट आकाराचो फोटो, सय, नाम्याचो दाखलो, वळखपत्राचो दाखलो आनी दिव्यांग प्रमाण पत्राचो दाखलो दिवपाक जाय.

ह्या वळखपत्रात दिव्यांग व्यक्तिची सविस्तार म्हायती आसतली आनी फुडारांत वळख सिध्द करपाक वा तपासणी खातीर हे एकमेव वळखपत्र पुरो आसतले. तशेंच दिव्यांग व्यक्तिची शारिरीक आनी अर्थिक प्रगतीचेर लक्ष दवरपाक मेळटले. पेन्शनाचो लाव, केंद्र आनी राज्य सरकारच्या येवजणांचो लाव घेवपाक मजत जातली.

अर्जदारान http://www.swavlambancard.gov.in/pwd/application. ह्या लिंकाचेर भेट दिवन ऑनलायन अर्ज करचो. पोर्टलाचेर नोंद जाल्या उपरांत अर्जदाराक नोंदणी नंबर मेळटलो.

चड म्हायती खातीर दिव्यांग व्यक्ति सशक्तिकरण विभाग, 0832-2232257, 2223784, 9325193655 फॅक्स. नं. (0832-2228172) वा socialwelfaregoa@rediffmail.com / statecoordinatorgoa@gmail.com चेर भेट दिवची.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/575

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji